Panaji Regional 29th March 2026 7.25am

Mann Ki Baat – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 132वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

Checked by doctor -70

Checked **BY DOCTOR** हया उपक्रमावरवी गोंयच्या 40 हजार परस चड बायलांनी स्वतच्या भलायकेची चांचणी करुन घेतल्या, हातुन खासगी आनी सराकरी हॉस्पिटलाप्त चांचणी केल्लया बायलाचो आसपाव आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी साखळे 'चेक बाय दोतोर' उपक्रमाच्या कार्यावळीत उलयतना दिली. 8 मार्च ते 31 मार्च 2026 मेरेन चलपी 'चेक बाय दोतोर' उपक्रमा खाला साखळीच्या सामुदायिक भलायकी केंद्रात बायला खातीर फुकट भलायकी तपासणी शिबिर आयोजीत केल्लें.

टी.बी - 70

क्षयरोग म्हणल्यारुच टी.बीचे दुयेस उपचारा उपरांत 6 म्हयन्याभितर पुरायपणान बरे जाव येता. ताका लागून टी.बी च्या दुयेसाची लक्षणा दिसुन आयल्यार स्वतची तपासणी करुन घेवची. सरकार प्रधानमंत्री टी. बी मुक्त भारत अभियान ह्या केंद्र सराकराच्या उपक्रमा वरवी टी.बीच्या दुयेसात फुकट उपचार आनी वखदा दिता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. टी.बी मुक्त भारत ह्या उपक्रमावरवी दोतोर घराघरानी येवन नागरीकाची तपासणी करतले अशीय म्हायती तांणी ह्यावेळार दिल्या.

NIOS – 70

नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओपन स्कूलिंग (एनआयओएस) दर वर्सा एप्रिल-मे आनी ऑक्टोबर-नोव्हेंबरांत- अश्यो दोन फावटीं एनआयओएस मुख्यालयान थारायिल्ल्या तारखेक सार्वजनिक परिक्षा घेता. महाराष्ट्र आनी गोंय राज्यांनि विहित परिक्षा केंद्रांचेर 10 एप्रिल 2026 सावन, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक अभ्यासक्रमां खातीर एनआयओएस सार्वजनिक परिक्षा (थिअरी) सुरू जावपाची आसा. ह्या परिक्षांचे वेळापत्रक एनआयओएस संकेतथळार उपलब्ध आसा.
ह्या थिअरी परीक्षांखातीर हॉल तिकेटी रोखडीच जारी जातली आणि एनआयओएसच्या या संकेतथळा वयल्यान डावनलोड करूं येता.

IPL – 55

इंडियन प्रिमियर लीग क्रिकेटाची एकुणिसावी आवृत्ती सुरू जाल्या. सध्याचो वस्ताद रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरून (आयपीएल) च्या 19व्या हंगामाची सुरवात जैतान केली. बेंगळुरूंतल्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमात  जाल्ले उक्तावणाचे मॅचींत ताणें सनरायझर्स हैदराबादाक 6 विकेटींनी हारयलो. आयपीएल 2026 च्या दुसऱ्या मॅचींत मुंबयतल्या वानखेडे स्टेडियमांत  मुंबय इंडियन्स कोलकाता नाइट रायडर्स आड खेळटलो. मॅच सांजवेळार 7:30 वरांचेर सुरू जातली.

Weather – 90

कर्नाटक आनी महाराष्ट्रा मजगतीं तयार जाल्लो उणो दाबाचो पट्टो आनी पुर्वे कडल्यान चलपी वाऱ्याक लागून राज्यांत ३० आनी ३१ मार्च आनी १ एप्रिलाक पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायली.

शेनवारा पणजेचें चडांत चड तापमान ३४.६ अंश आनी उण्यांत उणें तापमान २५.४ अंश नोंद जालें.